राष्ट्रीय खबरो

24.05.2025 @ 8.40 am

मुखेल खबरो

1 समकालीन जागतिक परिस्थिती खासा करून भारतासारख्या शांतताप्रिय राष्ट्रां खातीर चिंताजनक आणि हुस्क्याची आसा अशे उपराष्ट्रपती जगदीप धनखड हाणी म्हळां.

2 श्री नारायण गुरू आनी महात्मा गांधी हांचे मदल्या इतिहासीक संवादाच्या शताब्दी उत्सवाचें आयज नवी दिल्लींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी उक्तावण करतले.

3 भारतीय हवामान खात्यान चडशा राज्या वांगडा कोंकण आनी गोयातुय आयज व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय उक्तायल्या

4 कसोटी क्रिकेटात अँडरसन-टेंडुलकर ट्रॉफीचे पयले मॅचींत भारतान इंग्लंडाक 371 धांवड्यांचें लक्ष्य दीलां

धनकर 110

समकालीन जागतिक परिस्थिती खासा करून भारतासारख्या शांतताप्रिय राष्ट्रां खातीर चिंताजनक आणि हुस्क्याची आसा अशे उपराष्ट्रपती जगदीप धनखड हाणी म्हळां. धनखड हाणी नवी दिल्लीत एका कार्यक्रमात उलयताना हे सांगले. या कार्यक्रमा मजगती उपराष्ट्रपतीनी म्हणले की, आपल्या प्राचीन तत्वज्ञानान, घट मुट जावन भारतान सदाच एक बरी आणि साम्यवादी जागतिक व्यवस्थेची कल्पना केल्या जी सगळ्यां खातीर कल्याणकारी आसा. त्यांनी अधोरेखित केले की ही तत्वज्ञाना सदाच प्रासंगिक आसात आणि सध्याच्या समकालीन जगात काळाची गरज आसात. धनखड हाणी म्हणले की, भारतान सदाच हो संदेश दिला आणि त्यापासून केन्नच विचलित जावचो ना. आज भारताक त्याच्या लोकसंख्याशास्त्रीय आणि सभ्यतेच्या स्वरूपासमोर अस्तित्वात्मक आव्हानांचो फुडो करचो पडटा जाका लागुन चिंता निर्माण जाता. त्यांनी नमूद केले की, भारताची अद्वितीय इतिहासिक ओळख आणि मूळ मूल्यव्यवस्था सांबाळुंक जाय.

मोदी 50

भारतांतले दोन व्हड आध्यात्मिक आनी नैतीक फुडारी श्री नारायण गुरू आनी महात्मा गांधी हांचे मदल्या इतिहासीक संवादाच्या शताब्दी उत्सवाचें आयज नवी दिल्लींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी उक्तावण करतले. हो इतिहासीक संवाद शिवगिरी मठांत 12 मार्च 1925 दिसा महात्मा गांधीच्या भेटी वेळार जालो. वैकोम सत्याग्रह, धार्मिक धर्मांतर, अहिंसा, अस्पृश्यता ना करप ह्या सारक्या प्रस्नांचेर तातूंत भर दिल्लो.

बिर्ला 75

लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला हाणी सांगले की, संसदेच्या अंदाज समितीन पारदर्शकता सुधारपाक आणि राष्ट्रीय विकास उद्दिष्टांकडे खर्चाचे संरेखन करपाक अर्थसंकल्पीय सुधारणांमदी सातत्यान योगदान दिला. मुंबईत संसद आणि राज्य/ आनी केंद्रशासित प्रदेशांच्या विधान मंडळांच्या अंदाज समितीच्या राष्ट्रीय परिषदेच्या उक्तावण सत्रात उलयताना बिर्ला हाणी म्हणले की, समितीन सार्वजनिक सेवांचे वितरण सुधारपाक आणि करदात्यांच्या पैशाचो न्याय्य वापर सुनिश्चित करपाक प्रभावी शिफारसी केल्यत. भारतीय संसदेच्या अंदाज समितीच्या ७५ व्या वर्षाच्या स्मरणार्थ दोन दिसांचो हो कार्यक्रम आयोजित केला.या वेळार सभापतींनी एक स्मरणिकाय प्रकाशित केली.

वेचणूक 85

वेचणुक आयोगान मतमोजणी पूराय जाल्याउपरांत चार राज्यांमधल्या पाच विधानसभा मतदारसंघांत जाल्या पोट वेचणुकांचे निकाल जाहीर केले. आम आदमी पक्ष (आप) क दोन सुवाती मेळल्या, तर भाजप, काँग्रेस आणि तृणमूल काँग्रेसीन प्रत्येकी एक सुवात जिंकली. गुजरातात, काडी मतदारसंघात विधानसभा पोटवेचणुकेत भाजपचे राजेंद्रकुमार दानेश्वर चावडा विजयी झाले. विसावदर मतदारसंघात आपचे गोपाल इटालिया विजयी झाले. पंजाबात लुधियाना पश्चिम विधानसभा मतदारसंघात आपचे आनीक एक उमेदवार संजीव अरोरा जैतिवंत झाले. केरळात काँग्रेसचे उमेदवार आर्यदान शौकत हाणी निलांबूर विधानसभा मतदारसंघात दणदणीत जैत मेळयले. पश्चिम बंगालात कालीगंज विधानसभा मतदार संघातल्यान तृणमूल काँग्रेसची उमेदवार अलिफा अहमद जिकली.

UPI 90

सरकारान युनिफाइड पेन्शन योजनेचो पर्याय वापराची निमणी अंतिम तारीख तीन महिन्यांनी वाडोवन या वर्सा ३० सप्टेंबर मेरेन करपाचो निर्णय घेतला. ही निमणी तारीख पात्र केंद्रीय सरकारी कर्मचारी, निवृत्त आणि मरण आयिल्ले निवृत्त व्यक्तींच्या कायदेशीररित्या लग्नाच्या जोडीदारां खातीर लागू जातली. पात्र केंद्रीय सरकारी कर्मचाऱ्या खातीर युनिफाइड पेन्शन योजना या वर्सा जानेवारीत अर्थ मंत्रालयान अधिसूचित केली. नियमांप्रमाण पात्र सरकारी कर्मचाऱ्यांक राष्ट्रीय पेन्शन प्रणालीतलान युनिफाइड पेन्शन प्रणालीत स्थलांतरित जावपाक या महिन्याच्या ३० तारखे मेरेन तीन महिन्यांचो कालावधी दिल्लो . वित्त मंत्रालयाच्या म्हणण्याप्रमाण ही तारीख वाडोवपाक वेगवेगळ्या भागधारकां कडच्यान प्राप्त जाल्या निवेदनांच्या आधारान कट ऑफ तारीख वाडोवपाचो निर्णय घेतला

शाह 90

घरमंत्री अमित शहच्या अध्यक्षतेखाला रायपूरात नक्षलवादाचो फुड़ो करपाविशी आढावो बसका झाली. छत्तीसगड, आंध्र प्रदेश, तेलंगणा, मध्य प्रदेश, महाराष्ट्र, झारखंड आणि ओडिशा या डाव्या विचारसरणीच्या अतिरेकी प्रभावित सात राज्यांचे पोलिस महासंचालक, अतिरिक्त पोलिस महासंचालक आणि वरिष्ठ अधिकारी या बसकेत सहभागी जाल्ले. फुडल्या वर्सा ३१ मार्च मेरेन देश नक्षलवादा पासून मुक्त जातलो, असो पुनरुच्चार शहा हाणी केला. आमचे सुरक्षा दल आपलयो कारवायो सुरू दवरतले. सुरक्षा दलांनी दाखयल्या शौर्याच्या आधारान आणि गुप्तचर संस्थांनी आखलेल्या अचूक रणनीतींच्या आधारान सरकार फुडल्या वर्सा मार्च मेरेन देशाक नक्षल समस्येपासून मुक्त करपाचे ध्येय निश्चितपणान साध्य करतले अशे शाह हाणी म्हणले

जोशी 70

केंद्रीय गिरायक व्यवहार, अन्न आणि भौशिक वितरण मंत्री प्रल्हाद जोशी हाणी सांगले की, प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीच्या सरकारच्या कल्याणकारी धोरणांनी देशात सुमार २६ कोटी लोकांक गरिबीतल्यान भायर काडला. बिहारात खगारिया हांगा एका कार्यक्रमात उलयताना जोशी हाणी म्हणले की, एनडीए सरकारच्या काळात धोरणा आणि कार्यक्रम प्रभावीपणान राबयतात, ताका लागुन बरे परिणाम दिसून येतात.  जोशी यांनी अधोरेखित केले की प्रधानमंत्री किसान सन्मान योजने अंतर्गत लाभार्थ्यांच्या खात्यात लाख ८० हजार कोटी रुपये थेट हस्तांतरित केलात

मुखर्जी 40

काल डॉ. श्यामाप्रसाद मुखर्जी हांच्या हुतात्मा दिसा निमित्त प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी श्रद्धांजली ओपली. मोदी हाणी म्हणले की, देशाची अखंडता अबाधित दवरपाक डॉ. मुखर्जी हाणी अतुलनीय धैर्य आणि प्रयत्न दाखयले. उत्तर प्रदेशचे मुखेलमंत्री योगी आदित्यनाथ हाणीय डॉक्टर shyamaprasad मुखर्जी हंका श्रद्धांजलि ओपली (byte)

पुरी 55

पेट्रोलियम आणि सैमिक वायू मंत्री हरदीप सिंग पुरी हाणी आंतरराष्ट्रीय समुदायाक दहशतवादा आड एकठाय येवपाचे आवाहन केला. आयर्लंडतल्या कॉर्क हांगा अहाकिस्तात एअर इंडिया फ्लाइट १८२ (कनिष्क) बॉम्बस्फोटाच्या ४० व्या वर्धापन दिसानिमित्त आयोजित कार्यक्रमात उलयताना ताणी म्हणाले की, दहशतवादाचो फुडो करपाक जगान एकठाय येवपाची गरज आसा. हे वेळार ताणी २३ जून १९८५ त जाल्या दुर्घटनेची याद करून दिली

सिंधु 60

ऑपरेशन सिंधु खाला मशहादांतल्यान भायर काडिल्ले वट्ट 290 भारतीय नागरिक आनी एक श्रीलंकेचो नागरिक काल सांजवेळा ऑपरेशन सिंधु खाला खाशेल्या विमानांतल्यान नवी दिल्ली पावले. आतां मेरेन 2003 भारतीय नागरिकांक इराणांतल्यान सुरक्षीतपणान परत हाडल्यात अशी म्हायती परराश्ट्र मंत्रालयान दिल्या. मजगतीं, हे कारवाये खाला 161 प्रवाशांचो पयलो गट आयज जॉर्डनांतल्या अम्मान सावन दिल्लीक पावतलो.

ऑइल 40

कतारांतल्या अल उदेद अमेरिकेन हवाई तळाचेर इराणान हल्लो केल्या उपरांत जागतिक तेलाच्या किमतींत पाच वर्षांतली  एका दिसातली  सगळ्यांत व्हड घसरण नोंद जाला. इराणी अणुकेंद्रीय सुविधांचेर अमेरिकेच्या हल्ल्याक जाप दितना इराणान प्रतिकारात्मक हल्लो केल्ल्यान तेलाचे दर 6 टक्क्यां परस चड म्हळ्यार प्रति बॅरल ५ अमेरिकन डॉलर्सन घसरल्या

हवामान 85

भारतीय हवामान खात्यान फाल्यां सावन वायव्य भारतांतल्या खुपशा सुवातींनी व्हड ते सामको दडकांनी पावस आनी मुखार वाडत वचपी पावसाचो अदमास काडला. मध्य प्रदेशांत आयज खूब व्हड ते दडकांनी पावस पडपाची शक्यताय आसा. बिहार, झारखंड, ओडिशा, छत्तीसगढ़, अस्तंत बंगाल, सिक्किम, अरुणाचल प्रदेश, कोंकण, गोंय, मध्य महाराष्ट्र, गुजरात, हिमाचल प्रदेश, उत्तराखंड, अस्तंत उत्तर प्रदेश, राजस्थान, केरळ आनी कर्नाटकांत आयज व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय आसा. गुजरात दर्यादेग, कोंकण दर्यादेग, आंध्र प्रदेश दर्यादेग, मध्य बंगाल खाडी आनी अंदमान दर्या वाठार आनी ताचे भायल्यान आयज नुस्तेमारांनी  वचचे न्हय असो सल्लो दिला.

क्रिकेट 40

कसोटी क्रिकेटात  लीड्सच्या हेडिंगली हांगा सुरू आशील्या अँडरसन-टेंडुलकर ट्रॉफीचे पयले मॅचींत भारतान इंग्लंडाक 371 धांवड्यांचें लक्ष्य दीलां. लक्ष्याचो फाटलाग करपी इंग्लंड काल रातीं चवथ्या दिसाचो खेळ सोंपलो तेंना बिनबाद 21 धांवड्यर खेळतालो . ताचे आदीं भारताचो दुसरो डाव 364 धांवड्यांर सोंपलो